**अबकारी खात्यातल्या पदांखातीर शारीरिक फिटनेस चाचणी दिवपाक निमाणी संद**

ता. 1 नोव्हेंबर 2022

अबकारी खात्यातल्या अबकारी निरीक्षक, उपनिरीक्षक आनी सहाय्यक अबकारी गार्ड पदांच्या भरतीखातीर खात्यान ह्या पयली आयोजीत केल्ल्या शारीरिक फिटनेस चाचणेक गैरहजर राविल्ल्या अर्जदारांक शारीरिक फिटनेस चाचणी म्हळ्यार उंची आनी छातीचे माप दिवपाक खात्यान निमाणी संद दिल्या आनी त्या खातीर खात्यान अबकारी निरीक्षक पदांखातीर 3 नोव्हेंबर 2022 दिसा, अबकारी उपनिरीक्षक पदांखातीर 4 नोव्हेंबर 2022 दिसा आनी सहाय्यक अबकारी गार्ड पदांखातीर 5 नोव्हेंबर 2022 दिसा फिटनेस चाचणी आयोजीत केल्या. ही फिटनेस चाचणी सकाळी 10.00 ते सांजेची 5.00 वरांमजगती तांच्या संबंदीत निवासी तालुक्यांनी जातली आनी फकत पयलीच्या चाचणेक गैरहजर राविल्ल्या उमेदवारांकच हे चाचणेक उपस्थित रावपाक मेळटले.

ह्याय शारीरिक फिटनेस चाचणेक गैरहजर रावपी उमेदवारांक आनीक संद मेळची ना. तशेंच उमेदवारांनी मूळ फोटो वळख आनी अर्जाच्या प्रतीसयत शारीरिक फिटनेस चाचणेक हजर रावप गरजेचे आसा. तशेंच उमेदवारांनी एक वा चड पदांखातीर अर्ज केल्ले आसात वा एकाच पदाखातीर अनेक अर्ज केल्ले आसत जाल्यार तांणी तशी म्हायती चाचणी केंद्राच्या अधिकाऱ्यांक दिवपाक जाय आनी तशें केले ना जाल्यार फकत एकाच पदाखातीरचो अर्ज विचारात घेतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/673

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji